## Quadrant II – Transcript and Related Materials

**Programme:** तिसरें वर्स: कला

**Subject:** कोंकणी

**Course Code:** KOD -106

**Course Title:** गजानन जोगांच्या कथांचो चिकित्सक अभ्यास

**Unit:** IV

**Module Name:** गजानन जोगांच्या कथांचो चिकित्सक अभ्यास रुद्र – कमळी, खावगो, वक्ल फुटलें.

**Name of the Presenter:** सेन्सिको डायस

---

### Transcript

गजानन जोग हांच्या रुद्र कथा संग्रहांतल्या कळमी, खावगो आनी वकल फुटलें ह्या कथांचेर अभ्यास करुंया. तांची कमळी ही कथा मोग आनी समाजीक प्रकारांत आपलें स्थान घेता जाल्यार खावगो व्यक्तीगत आनी समाजीक आनी वक्ल फुटलें ही कथा समाजीक प्रकारांत मोडटा. ह्या कथा विनोदी स्वरुपाच्यो आसात खऱ्यो पूण तात ुंतलो विशय गंभीर आसा. कथांचें विश्लेशण करचे पयलीं कथांचें कथानक थोडेभीतर जाणा जावन घेवूंया.

**<u>कथानक</u>**

**कमळी (रुद्र)**

लेखक एच. क्यू. पणजे काम करतालो पूण तांकां आत्रापयऱ्यान बेळगांव, हुबळी आनी धारवाड भोंवडी करची पडटाली. एक दीस बेळगांवच्यान येतना तांकां बसींत एक आजी आनी चली दिसता. चलयेचें नांव कमळा. तें लेखकाच्या मनांत तशेंच काळजांत रूजता. बसींत तांची वळख जाता. लेखकाक ती आवडटा. तांच्या संवादांतल्यान तांची पुराय वळख जाता. एक दीस असोच लेखक कामाक लागून धारवाडच्यान येतना लेखकाक अॅक्सिडेंट जाता. ताका कमळीची याद जाता आनी तो तांगेर वता. थंयसर आजी ताची वासपूस करता... कमळी येवन ताची खबर घेता... रातच्या वेळार दोंगांयचो मोग फुलता... कांय दिसांनी कमळीक दीस गेल्याची खबर कळटा... लग्नाक लेखक तयार नासता... ताका सोडून वता... कांय काळा उपरांत ताका आपली चूक जाणवता आनी तो परत कमळीगेर वता... आजी आनी ल्हान भुरगें आसता. कमळी मरता... आपल्या भुरग्याक आनी आजेक सांबाळटा.

**खावगो (रुद्र)**

खावगो (शिवा शंकर) जाणटो मनीस. ते आपल्या जिणेचें कथन करतात. आपल्या जिणेंत आयिल्ले प्रसंगांचें वर्णन करतात. तांकां भुरगो आसतना शिकपाक आवड नासलें पूण हेर कांमां ते खूब उमेदीन करताले जशे दोर काडप, दोरयो कानयों करप, सान्नी करप आदी. ते कपडे लेगीत शिंवताले. तांकां कितें ना कितें करपाक जायच आसलें. कथेंत ते आपले विशीं सांगतनाच आपल्या भुरग्यांची वळख करतात. एक दीस तांचे जिणेंत अशें घडटा, एक बामण भांगराचें ब्लॅक करतालो. खावगो तांचो मानाय आसलो. एक दिस घोग्यांनी पावस पडटालो. तकलेर वोजें घेवन दोंगरा वेल्यान येताले तेन्ना अकस्मात पुलीस आयले. सगळ्यांनी (बामणाक धरून) धांव मारली पूण शिवा शंकर वोजें थंयच लिपयलें आनी उदकाकडेन वचून बसलो. पुलिसांनी विचारलें तेन्ना आपूण बेश्टोच बसला अशें सांगता. पुलीस वतात. खावगो बऱ्याच वेळान वोजें घेवन घरा येता. बामण दोन म्हयन्यान खावग्यागेर येता तेन्ना खावगो बामणाक वोजें दिता. बामण ताका इनाम दिवपाक येवजिता पूण मागीर विसरता.

### वक्ल फुटलें (रुद्र)

सीएमाक वक्ल म्हत्वाचें. ताका वक्ल नासतना कांयच दिसना. रातच्या वेळार सी एम न्हिदिले कडेन ताचें वक्ल तांचे घरकान्नीक दिसना एनी ती चिंतेस्त जाता. आपल्या घोवाचें वक्ल खंय असो तिका प्रस्न पडटा. ती वेळ पळय नासतना सी एमाच्या पी एक (रायकार)फोन करता आनी सी एमाचें वक्ल शेणिल्याची खबर सांगता. आनी हांगाच्यान पुराय कथानक गतीन धावता. पी ए गोपीक फोन करता आनी खबर सांगता आनी ताका सी एमाच्या ऑफिसांत धाडटा. ऑफिसांत गेल्यार वक्ल नासता पूण कितें तरी फुटिल्यो कंवच्यो आसतात. गोपी रायकाराक कंवच्या विशीं सांगता. रायकार गोपीक सी एमाच्या ऑप्टिशनाक हाडपाक सांगता. गोपी वेळ काडिनासतना सिलीमखानाक (ऑप्टिशन) घेवन येता. पूण कोणाकच सी एमाच्या वक्लाचो नंबर खबर नासता. आतां प्रश्न निर्माण जाता तो सी एमाच्या दोळ्यांचो नंबर कसो काडप नंबर काडटलो जाल्यार सी एमाक उठोवपाक जाय. सी एमाक उठयल्यार तो रागार जातलो. हें सगळें उलयता आसतनाच सी एमाचो खास नोकर(फटोबाब) येता. सगळे जाण ताका उठोवपाक सांगतात. तो पयलीं नाकारता पूण मागीर एक अट घालता, आपूण उठयतां पूण हांव मागीर हांगा रावचों ना. सगळे जाण ताची अट स्‌विकारतात. फटोबाब सी एमाक पडलें... पडलें... अशें म्हणून उठयता आनी गडबडींत खाटी पोंदा लिपता. सी एम उठा आनी बडबडटा. रायकार सी एमाक भिवपा सारकें कांयच ना म्हणटा आनी ताका कित्याक उठायला तें सांगता. सी एम तेन्ना सांगता की आपलें वक्ल खाटी पोंदा जें न्हिदता आसतना दवरिल्लें तें काडटा. वक्ल फुटिल्लें आसता. सी एमाक प्रश्न पडटा. न्हिदता आसतना बरें दवरिल्लें तेन्ना फटो भियेत भियेत सांगता, वक्लार म्हजो पांय लागलो जेन्ना हांव तुमकां उठोवन खाटी पोंदां लिपतालो तेन्ना. सी एमान कोणाकच कांयच म्हणलें ना पूण सगळ्यांची शेवटाक तोखणाय करता.

### संवाद

ह्या कथांनी आयिल्ले संवाद सादे आसात तशेच ते पात्राच्या मनांत कितें भावनां आसात त्यो कळपाक आदार करतात. कथेची गती कथानकाच्या आदारान जाता तशीच पात्रांच्या आदारान संवादांची गती जाली दिस्टी पडटा. संवादांतल्यान उत्सुकता, राग, मोग सारकेल्यो भावना दिश्टी पडटात.

### कांय वेचींक संवाद अशे:

*उत्सुकताआशिल्ले संवाद*

1. तुमची सगळी फॅमिली तिकडेच रहाते

फॅमिली म्हणजे मी आणि आजीच. सध्या मामा येतो कधी कधी. तो तिचेकडेच असतो वेळग्याला, खाणीवर.
अच्छा आणि तुझे आई वडील
वडील लहानपणीच गेले. आणि आई... आहे... (पान 99 )
ह्या वयल्या संवादांतल्यान लेखक कमळीच्या घरच्यांची म्हायती विचारपाक उत्सुक आशिल्ले दिसतात कारण तांकां कमळी विशीं म्हायती जाय आसली कारण ते तांचो मोग करताले.

2. हॅलो मॅडम, हांव रायकार उलयतां.
   वक्ल मेळ्ळें
   ना मेळूंक ना, पूण फुटलें ही खबर कळ्ळी.
   कशी कळ्ळी कोणे फोडलें वक्ल (पान 114)
   ह्या संवादांतल्यान शेणिल्लें वक्ल सोदपांत वा मेळोवपांत जी उत्सुकता आसा ती दिसता.

### वातावरण

लेखकन कथेंत बरे तरेन वातावरणाचो घटक हाताळिलो आमकां दिसता. कथेंत चित्रीत जालीं कांय वातावरणांचेर पळोवया.

सगले जाण वयर बंगल्यांत वतात. माजराच्या पावलांनी सी एमाचे कुडींत वतात. तांचे धोळे पळयतात. पूण दोळे दांपिल्ले आसल्या कारणान नंबर मेळना. (पान 115)

सरभोंवतणचो काळोख म्हाका पयलेच फावट दिसलो. (पान 102)

### निवेदन

कथेचें सुत्र निवेदनांत आसता. लेखकान कथेंत निवेदन करतना सादी सोपी भास वापरल्या.

1. आनी ती चली हांसली. हें अजाप खंयचीच चली पयलेच फावट अशी हांलना. हिच्या हांसपाचे कारण कितें फॉरवर्ड, इनोसंट सुबेज..... म्हज्या मनांतल्या रेफरंस डिपार्टमेंटाक हावें ओर्द दिली. कांय खिणां भितर रिपोर्ट आयलो. (पान 98)
2. म्हाका वर्सां जातलीं आतां कमीत तीं चार इसो. मी बरो गोरांराखणो जावन काश्टी बिश्टी न्हेसपाक शिकल्या उपरांत कणकी फुल्लेल्यो.... (पान 107)

### भास

कथेंत लेखकान सादी आनी सोपी भास वापरल्या. कोंकणी भाशेंतली पेडणें वाठारांतली कोंकणीचो वापर केला तशेंच इंग्लीश भाशेंतल्या उतरांचो वापर जालो दिसता. खावगो हे कथेंत लेखकान क्रिस्तांव समाजांतली कोंकणी भाशेचो वापर एके कडेन केलो दिसता आनी ती गरज म्हण आयल्या. देखीक थिंगा कितें कोत्ताय रे (पान 109). कमळी कथेंत मराठी भाशेचो संवादांत वापर केलो दिसता देखीक – गोव्याला जाणार

- गोव्याला नक्की कुंठ (पान 99)

कथेंत लेखकान कोंकणी भाशेची गिरेस्तकाय दिसता. तांच्या कथेंत म्हणी आनी वाक्यप्रचार दिसतात. देखीक

1. सुको उल्लां – आंकवार उरप (पान 99)
2. मड्याभाशेन पातळावप – मरण दवरतात तशे(पान 102)
3. काचाबूल जावप (पान 105)
4. हाडां पडप – मरप (पान 107)
5. घराक भांगराचे नळे घालप – (पान 109)
6. शेणातले किडे शेणात रावनात – (पान 109)
7. दोळे कपलाक वचप  (पान 109)
8. शेळो घाम सुटप – (पान 109)

तशेंच हेर कांय कोंकणी उतरां तशेंच इंग्लीश उतरांचो आस्पाव जालो जिसता. देखीक येगळे, चोळयो, मी, इस्तोरी, चरांट, किलिंडर, ब्रीफकेस, रेफरंस डिपार्टमेंट, रिपोर्ट, physical response, through proper channel.

**पात्रां**

कथेंत मेजकींच पात्रांचो वापर जालो आसा. गरज आशिल्लींच पात्रां वापरून लेखकान आपले कथांक एक स्थान निर्माण केलें दिसता. कांय मेजकींच पात्रां म्हणल्यार कमळा, आजी, लेखक – कमळी. शिवा गांवकार (खावगो). सी एम, सी एमाची घरकान्न, गोपी, रायकार (पी. ए), सिलीमखान(ऑप्टिशियन),फटोबाब – वक्ल फुटलें.

प्रत्येक पात्र आपली भुमिका कथेंत सांवाळटना दिसता.

**निशकर्श**

गजानन जोग हाणीं कोंकणी कथेक आपले परीं योगदान दिल्लें दिसता. ताच्यो कथा साद्यो आनी सोप्यो आसात. तांच्यो 'खावगो' आनी 'कमळी' ह्या कथांनी पयलो पुरुश निवेदन करता जाल्यार 'वक्ल फुटलें' कथेंत तिसरो पुरुश निवेदन करतना दिसता. 'खावगो' ही कथा पुराय निवेदनात्मक आसा जाल्यार 'वक्ल फुटलें' ही कथा संवादांच्या आदारान आशिल्ली दिश्टी पडटा. तांच्यांनी खावगो हे कथेंत गोंयांतल्या क्रिस्तांव समाजांतले भाशेचो वापर एकेकडेन केलो दिसता जी गरज म्हण आयल्या आनी थंयच कथेक उबार आयिल्लो दिसता. कारण त्या काळार पाखले आशिल्ले ते क्रिस्तांव आशिल्ल्यान कोंकणीची बोली वेगळी आशिल्ली दिसता आनी ती लेखकान थंयसर मांडल्या.

-